**गोंय विद्यापीठान प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 4 जुलय 2024

गोंय विद्यापीठान ESCO – Global (Absolute) Pvt Ltd नवी दिल्ली पुरस्कृत " डिस्कवरिंग द नेचर अँड इट्स मायक्रोब्स" ह्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपा खातीर 2 प्रकल्प सहाय्यक पदांच्या जागां खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान साध्या कागदाचेर अर्ज मागयल्यात.

निवड जाल्ल्या उमेदवारांक नमुने एकठाय करपा खातीर पुराय गोंय राज्यांत फील्डवर्क करचो पडटलो तशेंच गोंय विद्यापीठाच्या स्कूल ऑफ बायोलॉजिकल सायन्सेस अँड बायोटेक्नॉलॉजी विभागांत सूक्ष्मजीवशास्त्रीय विश्लेशण आनी संवर्धनक्षम सूक्ष्मजंतूंचे पृथक्करण करचे पडटले.

उमेदवार प्रयोगशाळा विश्लेशण अणभवा सयत एमएससी सूक्ष्मजीवशास्त्र/जैवतंत्रज्ञान/सागरी विज्ञान/वनस्पतशास्त्र/प्राणीशास्त्रात एमएससी पात्र आसपाक जाय. सूक्ष्मजीवशास्त्राच्या क्षेत्रात सागरी अधिवासातल्यान नमुने संकलनाचो आनी सूक्ष्मजीव संस्कृतींच्या पृथक्करणा खातीर प्रयोगशाळा विश्लेशण कामाचो अणभव आसपाक जाय. म्हयन्याक 20,000/- रूपया ( एकत्रित ) पगार आसतलो. प्रकल्पाचो कालावधी तीन म्हयन्यांचो आसा. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सां परस चड आसची न्हय.

इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी 12 जुलय 2024 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर मायक्रोबायोलॉजी विभाग, स्कूल ऑफ बायोलॉजिकल सायन्सेस अँड बायोटेक्नॉलॉजी, गोंय विद्यापीठ, हांगा अर्ज, मुळ गुणपत्रीका, प्रमाणपत्रे आनी तांच्या झेरॉक्स प्रती सयत मुलाखतीक हजर रावचे. तशेंच उमेदवार आपलो अर्ज : latagg@gmail.c om . चेर ई-मेल करपाक शकतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/285

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.